# सर्गेस्त दयानंद बांदोडकराची पुण्यतिथ

ता. 7 ऑगस्ट 2018
16 श्रावण 1940

गोंयचे पयले मुख्यमंत्री सर्गेस्त दयानंद बांदोडकर हांची पुण्यतिथ ता. 12 ऑगस्ट 2018 दिसा पाळटले. त्या दिसा सकाळी 8.45 वरांचेर मिरामार हांगा सर्गेस्त बांदोडकरांच्या समाधीकडेन जावपी कार्यक्रमात गोंय विधानसभेचे सभापती डॉ. प्रमोद सावंत, मंत्रिमंडळातले हेर वांगडी आनी हेर मानेस्त सर्गेस्त दयानंद बांदोडकरांच्या समाधीचेर पुष्पांजली ओपतले. ते उपरांत 9.00 वरांचेर मानेस्त पणजेच्या पोरण्या सचिवालयालागीच्या सर्गेस्त बांदोडकरांच्या पुतळयाक फुलाहार घालून आर्गां ओपतले आनी 9.15 वरांचेर पर्वरीच्या नव्या सचिवालय प्रकल्पातल्या स्व.बांदोडकरांच्या पुतळयाक फुलाहार घालतले.